# मुर्डी-देवसू ट्रान्सफॉर्मर उबारपाच्या कामाची सुरवात

ता. 15 फेब्रूवारी 2018

26 माघ 1939

पर्यटन मंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी मुर्डी-देवसू हांगा रू. 38 लाख खर्चून उबारपात येवपी 250 केव्ही ट्रान्सफॉर्मराच्या कामाचो शुभारंभ केलो.

ह्या वेळार उलयताना श्री. आजगावकर हांणी धारगळ वाठार आदर्श गांव करपाखातीर वेगवेगळे विकास प्रकल्प आनी येवजणो पूर्ण करपाक लोकांनी सहकार्य करपाची मागणी करून नवीन ट्रान्सफॉर्मराचे काम पूर्ण जाले उपरांत ह्या वाठारातली वीजेची समस्या सुटपाक मदत जातली, अशें सांगले.

धारगळ वाठारांत भौशीक मसणभूंय बांदपाच्या कामाक रांखडीच सूरवात जातली, अशेंय मंत्र्यानी सांगले.

उपरांत श्री. आजगांवकर हांणी वझरी, कासरवर्णे आनी हळर्ण हांगा बंधा-यांच्या दुरूस्ती कामाची सुयवात केली.

ह्या वेळार पंचायतीचे सरपंच, उपसरपंच आनी पंच वांगडी हजर आशिल्ले.